# EVS

## परिसर अभ्यास

### प्रश्न १ ते २१५

योग्य पर्याय निवडा :-

① हांव एक रानटी प्राणी,
म्हजी मान सगळ्यात ऊंच,
हांव कोण?

अ) गेंडो
ब) हत्ती
क) झेब्रा
ड) जिराफ

② आमी स्वंयच्या जनावराचा दुधापासून दही, चीज
लोणी तयार करतात.

अ) जिराफ
ब) झेब्रा
क) हरण
ड) गाय

③ वयारीचेर हांव, विणतां जाळें
जाळ्यां म्हज्या अडकता किडें
म्हज्या जेवणाचे जाता बेस-बरें
हांव कोण?

अ) कोळी
ब) पाखरां
क जल्लो
ड) हीं सगळीं

४) मनशाच्या घराची राखण करपी,
हाँव एक प्राणी, हाँव तांचो इश्ट
म्हणून मनीस म्हजो धनी.
हाँव कोण ?

अ) बोकडी
ब) उंदीर
क) सुणो
ड) गाय

५) सकयल दिल्ल्या पैकी खंयचो प्राणी आपल्या आंगाचो रंग बदलता ?

अ) शेळी
ब) पाल
क) गांडव
ड) हीं सगळीच

६) शेंपडी नाशिल्ले जनावर

अ) वाघ
ब) पाल
क) गांडव
ड) हांतुतले खंयच्चे न्हय.

७) सगळ्यात ल्हान प्राणी खंयचे ?

अ) चानी
ब) हत्ती
क) हरण
ड) वाघ

८) सकयल दिल्ला तातूतले खंयचें रानवटी जनावर न्हय?

अ) वाग
ब) शींव
क) गाय
ड) कोल्लो

९) म्हाका पांखा कल्ला आसात
उदका भितर हांव जगतले
भायर काडल्यार मरतले
हांव कोण ?

अ) बकें
ब) बेबूक
क) सोरोप
ड) नुस्तें

१०) एका जाग्यासावन दुसऱ्या जाग्यार वसपाक आमी चड करून ______ ह्या जनावरांच्या फाटीर बसतात.

अ) घोडो
ब) गाढव
क) हत्ती
ड) हीं सगळीं

११) थंडेचेर उपचार करपाखातीर सकयल दिल्ल्या खंयच्या वनस्पतीचो उपेग करतात ?

अ) तुळस
ब) गुलाब
क) शेंजा
ड) नण

१२) हांतूतलो एक वनस्पतीचो भाग न्हय.

अ) पानां
ब) खोड
क) पांस
ड) मूळ

१३) सकयल दिल्ल्या खंयच्या झाडाचे खोड मोठे आसा?

अ) कोडूलिंबू
ब) गाजर
क) तुळस
ड) रोजा

१४) मुळांचे कार्य कितें?

अ) वनस्पतीच्या उत्सर्जनाक आदार करतात.
ब) वनस्पतीक अन्न पचपाक मदत करतात.
क) उदक आनी पोशक तत्वां शोशून घेतात.
ड) वयलें सगळें.

१५) बारीक खोड आशिल्ले झाड.

अ) पणस
ब) कोडूलिंबू
क) वड
ड) तुळस

१६) पानाचे काम कितें?

अ) वनस्पती सोबीत दिसता.
ब) वनस्पतीखातीर अन्न तयार करता.
क) वनस्पतीक समतोल दवरपाक मदत करता।
ड) वयलें सगळें.

१७) वनस्पतीत बियो खंय आसतात ?

अ) पानां
ब) फूल
क) फळ
ड) फूल आनी फळ दोनूय

१८) सकयल दिल्ली खंयच्ची वनस्पती तळेंत पळोवंक मेळटा.

अ) गुलाब
ब) मोगरी
क) आबोली
ड) कमळ

१९) हात लायतगीर पाना आवळुपी झाड --

अ) लजें झाड
ब) हरयाळी
क तण
ड) शामुलो

२०) गिमाळ्यात जावपी फळां

अ) काळींग आनी आंबो
ब) आंबो
क) द्राक्षा
ड) सफरचंद

२१) खंयच्यो कृती करपाक आमकां उदक लागता !

अ) रानप
ब) कपडे धुवप
क) पिवप
ड) वयले सगळे.

२२) धातूची सुरी उदकांत घातल्यार कितें जातलें?

अ) उदकाचेर तरंगतली
ब) उदकांत बुडटली
क) उदकांत विरगळटली
ड) हांतूतलें एकूय न्हंय.

२३) आमकां उदकाची गरज कित्याक आसा?

अ) जगपाक
ब) न्हिदपाक
क) नाचपाक
ड) खेळपाक

२४) उदकाक ________

अ) स्थिर आकार ना
ब) आकार आसा
क) गोलाकार
ड) हें सगळें.

२५) धर्तरेचेर आशिल्लें चडशें उदक खंयच्या रुपांत आसा.

अ) घनरूप
ब) द्रवरूप
क) वायुरूप
ड) हांतूतलें खंयचें ना.

२६) लाकडाची वाटी ________.

अ) उदकांत तरंगतली
ब) उदकांत बुडटली
क) उदकांत विरगळटली
ड) हांतूतलें एकूय न्हंय.

२७) उदक खंयच्या रुपांत मेळटा
अ) हे सगळे
ब) वायु
क) द्रव
ड) घन

२८) आमचे पयशे खंय सुरक्षीत दवरतात
अ) रुगणालय
ब) शाळा
क) बँक
ड) बाग

२९) खंयच्या रानटी जनावराचो उपेग वाळवटांत भोवडेर वचपाक करतात.
अ) उंट
ब) गाय
क) सुणो
ड) बोकडी

३०) सकयल दिल्ल्या खंयच्या फळांत एक बी आसता.
अ) संफचंद
ब) आंबो
क) पोपाय
ड) वांयगे

३१) आमी ______ दांत घासपाक जाय.
अ) एकदा
ब) दोनदा
क) धा फावटी
ड) हांतूतलें खंयचें न्हय.

३२) हांव वखदां विकता. हांव कोण ?
अ) दोतोर
ब) गांवडो
क) फामासिकार
ड) प्लंबर

३३) नुस्तें आनी तांतयां खावपी लोकांक ______ म्हणटात.
अ) मांसाहारी
ब) शाकाहारी
क) भट
ड) म्हारा

३४) सकयल दिल्ल्या प्रमाणे सजीव वस्तूची वळख कशी करतले.
अ) सजीवांक अन्नाची गरज ना.
ब) सजीवांक जगपाक हवा लागता.
क) सजीवांक उदकाची गरज ना.
ड) वयले सगळें.

३५) सकयल दिल्ल्या खंयच्या येरादारी साधनांतल्यान धुंवर तयार जायना ?
अ) बस
ब) सायकल
क) गाडी
ड) ट्रक

३६) शाळेंत वतना आमी कसले कपडे घालतात?
अ) रेनकोट
ब) विशतीद
क) गणवेश
ड) स्वेटर

३७) आमचा घराचा भोंवतणी रावता तांका आमी ______ म्हणटात.

अ) शाळा
ब) शेजारी
क) कुटुंब
ड) घरची

३८) कॅक्टस खंय जातात ?

अ) वाळवटांनी
ब) दोंगराळ वाठारांनी
क) दर्यादेगेर
ड) मळबांत

३९) खंयच्या जनावराक पांय ना ?

अ) फुलपाखरु
ब) जिवाणों
क) उंदीर
ड) मावली

४०) आमच्या सभोंवतणी निवळ ; नितळ आनी शांत दवरपाक आमी किते करचे न्हय.

अ) झाडां लावप.
ब) फुलां लावप.
क) कोयर कचऱ्या पेटींत उडोवप.
ड) मोठ्या आवाजान संगीत वाजोवप.

४१) जर केसरी रंगाक १ अंक, पांचवो २ अंक आनी धवो रंग अंक ३ आसल्यार, आमच्या राष्ट्रीय झेंडातल्या रंगाचो क्रम ?

अ) १, २ आनी ३
ब) १, ३ आनी २
क) ३, २ आनी १
ड) ३, १ आनी २.

४२) सकयल दिल्ल्या शब्दांतल्यान सजीवाची संख्या सोदून काडात : सुणो, बस, नुस्तें, गाडी, झाड जनेल, पेन, गाय.

अ) ४
ब) २
क) ३
ड) ५

४३) खंयची वनस्पती वाळवंटांत सहज मेळटा?

अ) कोडू लिंबू
ब) आंबो
क) कॅक्टस
ड) पेरू

४४) सकयल दिल्ल्या कुडीच्या खंयच्या भागाक "ज्ञानाचे भंडार" अशें म्हणटात

अ) हात
ब) दोळे
क) मेंदू
ड) नाक

४५) ट्रॅफिक लायटीचो खंयचो रंग पेटल्यार रस्तो हुपपाक मेळटा?

अ) तांबडो
ब) पाचवो
क) हळदुवो
ड) केसरी

४६) फळां आनी भाजी

अ) दुयेंत पडपाक आदार करता.
ब) रोगा पासून आमची राखण करतात.
क) आमका वाड जावपाक आदार करतात.
ड) अन्नाचो पुरोवठो.

४७) ______ आमका जनावरापासून मेळटा।

अ) फळ
ब भाजी
क तांती
ड) तांदूळ

४८) हांतुतले खंयचे जनावर आपले अन्न चाबून खायना ?

अ) बेबो
ब) घोडो
क) हत्ती
ड) गाय

४९) हांतुंतलें खंयचे आमका वातावरण निवळ दवरपाक मदत करता

अ) कोयर कचऱ्या पेटीत उडोवन झाकण लावप
ब) झाडा लावप
क) अ आनी ब दोनूय
ड) फुला तोडप

५०) आमच्या कुडीची धोपरा सकल्लो भाग ______

अ) खांदो
ब) कमर
क) तळवो
ड) कोपर

५१) घर कोण बांदता ?

अ) आर्किटेक्ट
ब) गंवडो
क) फार्मासकार
ड) कुंबार

५२) खाणां - जेवणांतली खंयची वस्तू शिजोवन खातात .

अ) तांदूळ
ब) पाव
क) सामोसा।
ड) पुरी

५३) उदकांत पोंवतना नुस्त्याक खंयचे अवयव दिका बदलपाक आदार करतात ?

अ) पांखा आनी शेंपडी
ब) पांय आनी हात
क) पांखे आनी पिसां
ड) फुसफुसां आनी कल्ला

५४) ह्या जनावरां पासून आमकां लोकर मेळटा।

अ) गाडव
ब) मेंढरूं
क) बोकडी
ड) उंट

५५) रानटी जनवरां खंय रावतात ?

अ) भीळ
ब) अक्वेरीअम
क) रान
ड) शेत

५६) जायत्या वर्सां उपरांत लेगीत म्हजो आकार ,वजन उंची तीच उरता . हांव कोण ?

अ) शिवं
ब) खेळणे
क) मांजर
ड) झाड

५७) हांव जमनीर तशेंच उदकांत रावता.
अ) बेबो
ब) हस्ती
क) गाय
ड) झाड
५८) सकयल दिल्ले खंयचें झाडाचे उत्पादन पुण आमी खावपाक शकना.
अ) संत्रा
ब) रबर
क) कोबी
ड) मिरसांग
५९) झाडां ____ भायर सोडटात.
अ) सुर्य प्रकाश
ब) प्राणवायु
क) कार्बन-डाय-ऑक्सायड
ड) हातूतले खंयचे न्हंय.
६०) सकयल दिल्ल्या खंयच्या कपड्याक ड्राय-क्लिन करपाची गरज आसा.
अ) कापूस
ब) रेनकोट
क) रेशम आनी लोकर
ड) खंयचे न्हंय.
६१) झाडां निरोगी उरपाक कितें करपाक जाय.
अ) एक पेलो भर उदक दिवप
ब) गरज आसा तितलेंच उदक दिवप
क) भरपूर उदक दिवप
ड) खंयचे न्हंय

६२) इमारती आनी पुल बांदपी : ______

अ) इंजिनियर
ब) आर्किटेक्ट
क) कॉन्ट्रेक्टर
ड) गांवडो

६३) हांव सरकटा, धरीले सावज गिळटा. हांव कोण?

अ) पाल्ल
ब) जिवाणों
क) मावळी
ड) सुणो.

६४) कपडे शिंवपी मनीस

अ) पोस्टमन
ब) शिंवपी
क) झाडूवालो
ड) पारेकार

६५) सकयल दिल्ले कोण दुकानार माल विकता.

अ) अग्निशामक दल
ब) पोलिस
क) दुकानदार
ड) पारेकार

६६) दोतोराचे काम कितें?

अ) दुयेंती बरे करप
ब) भुरग्यांक शिकोवप
क) घरा बांदप
ड) हांतूंतले खंयचेंय ना.

६७) हांतूंतले खंयचे पदार्थ शिजय नासतना खावंक शकता.

अ) चपाती
ब) लिंबू सोडा
क) सालाड
ड) लोणी भाकरी

६८. सकयल दिल्ल्या इंधनांतल्या खंयच्चे इंधन रांधपाक वापरतात.

अ) कोळसो
ब) पेट्रोल
क) लाकूड
ड) शेणा थापी

६९. सकयल दिल्ल्या खेळांतले खंयच्चो खेळ भितर खेळपाक मेळटा.

अ) क्रिकेट
ब) फुटबॉल
क) चेस
ड) बास्केट बॉल

५०) हांतूतली खंयच्ची वस्तू न्हिदपाचे कुडीत आदळटा.

अ) ऑवन
ब) मेज
क) नळ
ड) गादी

५१) हांतूतले रांदचेकूडीत मेळना.

अ) लोखणी
ब) ओव्हन
क) खाट
ड) कुकर

५२) आमच्या घरचो कोयर आमी खंय उडयतात.

अ आलमार
ब खाटी सकयल
क कचऱ्या पेटीत
ड) जमनीर

७२) आमी केन्ना-केन्ना हात धुवंक जाय .
अ) जेवल्या उपरांत
ब) जेवच्चे पयली
क) अ आनी ब दोनूय
ड) खंयच्चे ना.

७४) कुकर कित्याक वापरतात
अ) जेवण शांदपाक
ब) अन्न सांडोवपाक
क) वापरूंक नाशिल्ले अन्न उडोवपाक
ड) हे सर्व

७५) दक्षिण भारतांतले लोक, हो पदार्थ कवचित न खातात.
अ) वडा - पाव
ब इडली - सांबर
क) उपमा
ड) उत्तपम

७६) भूक लागतगीर आमकां _____ दुखता .
अ) तोंड
ब) हात
क) पोट
ड) छाती .

७७) उडपाक शकता अशें जनावर
अ) वाग
ब) घोडो
क) वागोळें
ड) पाल

७८) डरांव डरांव आवाज करता, शेता मेरेर हांव दिसता. हांव कोण?
अ) दुकर
ब) कोलो
क) हरण
ड) बेबूक

७९) उदकांत आनी जमनीचेर रावता ·
अ) हरण
ब) सुणो
क) बेबूक
ड) डॉल्फिन

८०) हांव झाडार उरफाटो लटकता
अ) किर
ब) गरुड
क) वागोळें
ड) चिमणी·

८१) ह्या वनस्पतीतली खंयच्ची वखदी वनस्पती .
अ) तुळस
ब) कडुलिंबू
क) पुदीना
ड) हीं सगळीं

८२) ह्या झाडाच्या पानांचो उपेग आमच्या हाताचेर रंगीत डिजायन काडटात ·
अ) तुळस
ब) पिपळ
क) कोडूलिंबू
ड) मेहेंदी

८३) ह्या झाडाच्या फळापासून रोस तयार करतात ·
अ) कोडूलिंबू
ब) पिपळ
क) संत्रा
ड) बबूल

८४) ह्या वनस्पतीची पानां खावंक मेळटा
अ) तुळस
ब) पुदीना,
क) खावचें पान
ड) हें सगळें ·

८५) उदकाचो मुखेल स्त्रोत्र खंयचो
अ) न्हंय
ब) तळें
क) दर्या
ड) पावस

८६) उदकांचें घन रूप खंयचे ?
अ) वाफ
ब) फातर
क) बर्फ
ड) कांयच ना

८७) हांतुतलो खंयचो उदकाचो स्त्रोत न्हीं.
अ) न्हंय
ब) कनेल
क) धरण
ड) धोंब

८८) सकाळीं तणाचेर दिसपी उदकाचो थेंबाक कितें म्हणटात.
अ) दंव
ब) नाकुट
क) बर्फ
ड) कांयच ना

८९) उदक गरजेचें आसा
अ) पिवपाक
ब) झाडां वाडोवपाक
क बर्फ करपाक
ड) हीं सगळीं

१०) आमची पयली शाळा ______

अ) कुटुंब

ब) शार

क) पोरसू

ड) मैदान

११) बापायचा भाव ______

अ) काका

ब) मामा

क) आजो

ड) कोणी न्ही

१२) जेन्ना आदल्या काळाविशी कळपाक जाय तेन्ना हांव ______ विचारता.

अ) इश्ट

ब) काका

क) भयण

ड) आजो - आजी

१३) आमी हांगा जेवण शोदतात.

अ) रांधचीकूड

ब) निद्रचीकूड

क) म्होरी

ड) साल

१४) आमी आपले घर कशें दवरचे.

अ) घाण

ब) निवळ

क) अ आनी ब दोनूय

ड) कांयच ना

९५) गुरुद्वारांत दिल्लें अन्न

अ) लँगर

ब) फेस्त

क) दनपारचें जेवण

ड) रातचें जेवण

९६) चार म्हयन्यांच्या पिरायेमेरेन भुरगीं हे खातात

अ) दूध

ब) चपाती

क) दाळ

ड) तांदूळ

९७) चपाती ______ वापरून करतात.

अ) गंव

ब) तांदूळ

क) कडूण

ड) हे सगळें

९८) आमी सकाळीं खातात तेका ______ म्हणटात

अ दनपारचें जेवण

ब) नाश्तो

क) रातचें जेवण

ड) कांयच ना

९९) म्हजी चोंच गुलाबी आनी पिसां करडीं

अ) पारवें

ब) किर

क) चिमणी

ड) घार

१००) हे सुकणों मेल्ली जनावरां खाता
अ) गिधं
ब) कोगूळ
क) मोर
ड) हे सगळे

१०१) हांव तुमचो राष्ट्रीय सुकणो.
अ मोर
ब पोपट
क घुगूम
ड) मेरत.

१०२) झाडाच्या खोडांत बुराक करता
अ) कावळो
ब) चिमणी
क) गरुड
ड) खंयच्चें ना

१०३) म्हाका रातचें दिसता ____
अ) वागोळें
ब) चिमणी
क) घुघुम
ड) हीं सगळीं

१०४ उदकाची गरज ________ आसा
अ जनावरांक
ब झाडां
क) मनीस
ड) ह्या सगळ्यांक

१०५) इंद्रधनुष्याक ____ रंग आसा.
अ) ९ रंग
ब) ८ रंग
क) ७ रंग
ड) १० रंग

१०६) आयदनां कसल्या धातू पासून तयार करतात
अ) स्टील
ब) कवन्ची
क) चांदी
ड) भांगार

१०७) कच्चे खावपाक मेळपी अन्न.
अ) तवशें
ब) टमाट
क) कांदो
ड) हें सगळें.

१०८) शिजोवन खावपाचें अन्न.
अ) बटाट
ब) वायंगे
क) कोबी
ड) हें सगळें.

१०९) कच्चे तशेंच शिजोवन खावपाक मेळिल्लें अन्न.
अ) टमाट
ब) कोबी
क) गाजर
ड) हें सगळें.

११० रेल्वे कशी वता ---
अ) रेल्वेमार्ग
ब) रस्तो
क उदक
ड) कांयच ना ·

१११) होतून भिन्न आसा ते कुरू करात ·
अ) विमान
ब) एम्बयुलस
क) हेलिकॉप्टर
ड) अंतरिक्ष यान

११२) हे वाहन उदकांत चलना -
अ) बारज
ब रिकशा
क) पाणबुडी
ड) फेरी बोट

११३) पत्रां हाडपी ______
अ) पोस्टमन
ब) पुलीस
क) पारेकार
ड) कांयच ना ·

११४) न्यायालयात काम करणी
अ) आदोगाद
ब) दोतोर
क) नर्स
ड) दुकानदार

११५) खेंयची इंद्रिया कुड्या मनशांक आदार दिता.
अ) वास आनी स्पर्श
ब) वास
क अ आनी ब
ड कांयच ना

११६) ही एक वखदी वनस्पती
अ कोडूलिंबू
ब पुदिना
क तुळस
ड) हें सगळे

११७) हे फूल आमी खातात
अ) केळी बोण
ब) कच्चनार
क) दसगांची फुल
ड) हें सगळे

११८) ही पाना खातात ———

अ) करबेल

ब) पुदिना

क) कोंथबीर

ड) हें सगळें

११९) मातयेची आयदना करता तो ———

अ) कुंबार

ब) धवड

क) गांवडो

ड) हें सगळें

१२०) आमचो राश्ट्रीय खेळ —

अ) हॉकी

ब) क्रिकेट

क फुटबॉल

ड) बॅडमिंटन

१२१) खंयचो खेळ भितर खेळटा —

अ) कॅरम

ब) लुडो

क) बुद्धीबळ

ड) हॉकी

१२२) आमी आमचे पत्र खंय घालतात

अ) पोस्टात

ब) वाचनालय

क) रुग्णालय

ड) कोयच ना

१२३) भारताची राजधानी —
अ) दिल्ली
ब) श्रीनगर
क) बेंगळुरू
ड) सुरत

१२४) दाळ तळे खंयच्या राज्यात आसा
अ) श्रीनगर
ब) दिल्ली
क) गांधीनगर
ड) सुरत

१२५) दुद दिवपी प्राणी
अ) म्हैस
ब) बोकडी
क) गाय
ड) हीं सगळीं

१२६) सामानाचे वजें कोण व्हरता.
अ) गाढव
ब) उंट
क) बैल
ड) हे सगळे

१२७) माजराच्या बाळकांक कितें म्हणटात ?
अ) पिलं
ब) पेटो
क) पाडो
ड) पाडूक

१२८) आमी उदक कित्याक वापरतात .
अ) न्हावपाक आनी पियेवपाक
ब) अभ्यासाक
क) न्हीनदाप
ड) नाचपाक

१२९) कितें वाचोवपखातीर गळपी दळ दुरुस्त करपाक जाय .
अ) उदक
ब) दुध
क) माती
ड) रेव

१३०) आमकां उदक मेळना —
अ) पावस
ब) बाय
क न्हंय
ड) झाड

१३१) विभक्त कुटुंबात कोण - कोण रावता .
अ) आवय - बापूय - भुरगीं
ब) आजो - आजी , आवय - बापूय , भुरगीं
क) मामाआई - आजो , आवय - बापूय , भुरगीं
ड) काका - काकी , आवय - बापूय भुरगीं .

१३२) कच्चीं घरां कशीं उबारतात .
अ) कोणो आनी चुड्टा
ब) शिमीट आनी विटो
क) सरी आनी शिमीट
ड) फातर आनी माती

१३३) सुचना फलकाचो वापरत केन्ना जाता.

अ) इमारत रस्ते आनी नियम

ब) खुर्ची आनी मेज

क) पुस्तक आने पेन

ड) बाटली आनी पेलो

१३४) हॉच्या पासुन आमकां तांतयां मेळटा।

अ) कोंबडी

ब) ससो

क) गाय

ड) म्हैस

१३५) आमकां तेल मेळटा

अ) नाल्ल

ब) कोइलिंबु

क) तुळस

ड) आंबो

१३६) किड्यांक कितले पांय आसता

अ) ६ पांय

ब) पांय ना

क) धा पाय

ड) पांय आसा

१३७) सुकण्यांक ——— आसता

अ) पिसां

ब) काल्ला

क) कवचो

ड) कपडे

१३८) सकयल कांय नांवां दिल्यांत
① बोकडो ② मनीस ③ कोंबडी ④ गरुड
वयली खंयच्ची जोडी सर्वभक्षक

अ) १ आनी २

ब) २ आनी ३

क) ३ आनी ४

ड) २ आनी ४

१३९) सकयल कांय जनावरांची नांवां दिल्यात
① गाय ② मेंढरां ③ घोडो ④ बैल
मनशाखातीर हांतूतली खंयच्ची दुदाची स्त्रोत

अ) १ आनी ३

ब) १ आनी २

क) २ आनी ३

ड) ३ आनी ४

१४०) दरेक संच वाच्चून घेयात आनी वेगळो संच वळखात.

अ) गाय, दूद, लोणी

ब) कोंबडी, चिकन, तांतयां

क) बोकडी, दूद, मटन

ड) झाड, भाजी, लोणी, दूद

१४१) बाल दिन ______

अ) १४ नोव्हेंबर

ब) २ ऑक्टोबर

क) १८ ऑगस्ट

ड) २५ जानेवारी